Aakashvani Panaji

National news

9th November 2025 8.40 am

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ह्या म्हयन्याच्या 11 तारखे सावन दोन दिसांच्या भूतान भोंवडेर आसतले . हे भेटी वेळार प्रधानमंत्री मोदी आनी भूतानाचे राजा जिग्मे खेसर नामग्येल वांगचुक एक हजार वीस मेगा वॅट जलविद्युत प्रकल्प पुनाटसांगचू-दुसरो चें उक्तावण करतले. भारत आनी भूतान संयुक्तपणान हो प्रकल्प तयार केला. भूतानाचो चवथो राजा जिग्मे सिंग्ये वांगचुक हांच्या 70व्या वाडदिसाक समर्पीत केल्ल्या उत्सवाक प्रधानमंत्री हाजीर रावपाचे आनी ताच्या समकक्ष त्शेरिंग टोबगेकय मेळटले.

प्रधानमंत्री मोदी जागतीक शांतताय प्रार्थना महोत्सवांत वांटो घेतलो आनी थिम्फूच्या ताशिचोडझोंग हांगाच्या पवित्र अवशेशांक प्रार्थना करतलो. प्रधानमंत्र्याचे भेटेक लागून दोनूय वटांनी द्विपक्षीय भागीदारी आनीक वाडोवपाचे आनी घटमूट करपाचे मार्गांचेर विचार करपाची संद मेळटली, आनी परस्पर हिताच्या प्रादेशिक आनी व्यापक प्रस्नांचेर मतांचो आदान-प्रदान करपाची संद मेळटली अशें विदेश वेव्हार मंत्रालयान सांगलां.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज वाराणसी रेल्वे स्टेशना वयल्यान चार नव्या वंदे भारत एक्सप्रेस गाडयांक पांचवो बावटो दाखयलो.

आयज उत्तर प्रदेशाचे उदरगतीक लागून पर्यटनाच्यो व्हड संदी निर्माण जाल्यात आनी संवसारांतल्या विकसीत देशांच्या अर्थीक वाडीत मुळाव्या साधनसुविधांचो म्हत्वाचो वांटो आसा अशें प्रधानमंत्रांनी सांगलें.

बिहार वेचणूकेच्या दुस-या पावंड्यावेलो प्रचार पावलो तेंगशेर. वेगवेगळया राजकी पक्षांचे फुडारी मतदारांक आकर्षित करपाचे सगळे यत्न करतात. एनडीए फकत उदरगतीचेर न्हय तर राज्याचें दायज सांबाळपाचेरूय लक्ष केंद्रीत करता अशें अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सीतामढींत जाल्ले भौशिक सभेत सांगलें. तशेच बेतियात घेतल्या आनीक एक भौशीक बसकेंत उलयतना प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें
मजगती घरमंत्री अमित शाहा हाणी पूर्णियात जाल्ले भौशीक बसकेंत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी मुख्यमंत्री नीतीश कुमार हांच्या फुडारपणा खाला बिहार विकसीत राज्य जावपाचे वाटेर आसा अशें सांगलें.

इतले मजगती दुसरे वटेन काँग्रेसीचे वरिश्ठ फुडारी प्रियंका गांधी हाणी कटिहार जिल्ह्यांत जाल्या वेंचणुक रॅलीक संबोधीत केलें. महागठबंधनाचे मुख्यमंत्रीपदाचे उमेदवार तेजस्वी यादव हांणी जमुईंत वेंचणुकेच्या रॅलीक संबोधीत करतना बेरोजगारीची समस्या सोडोवपाक आपूण बंदील आसा अशें सांगलें. महागठबंधन सत्तेर आयल्यार लोकांक दिल्ले सगळे आश्वासन पुराय करतले अशी आश्वासन तांणी दिले .
सासाराम आनी अरवलांत भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी आनी केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह भौशीक बसकेंत उलोवप करतले. भाजपाचो वरिश्ठ फुडारी आनी संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग औरंगाबाद आनी कैमूर हांगाच्या दोन रॅलींनी उलोवप करतले. jd अध्यक्ष आनी मुख्यमंत्री नीतीश कुमार औरंगाबाद, गया, कैमूर हांगा जायत्यो वेंचणुकेच्यो रॅली करतले. उत्तर प्रदेशाचे मुख्यमंत्री आनी भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी योगी आदित्यनाथ अररिया, सुपौल, आनी मधुबनी जिल्ह्यांतल्या जायत्या भौशीक बसकांनी वांटो घेतले. महागठबंधनांतल्यान काँग्रेसीचो वरिश्ठ फुडारी राहुल गांधी पूर्णेया आनी किशनगंजांतल्या भौशीक बसकांनी उलोवप करतले. भाभुआ, रोहतास आनी औरंगाबाद हांगाच्या 11 भौशीक बसकांनी राजद फुडारी तेजस्वी प्रसाद यादव उलोवप करतले. बसपा, आयआयएमआयएम, आनी हेर पक्षांतले स्टार प्रचारक जन सूराज पक्षाचे संस्थापक प्रशांत किशोर हे प्रचाराच्या ह्या निमाण्या दिसा खर वेंचणुकेच्या रॅली, भौशीक बसका, रोडशो हातूंतय वांटो घेतले.

भारत आनी ऑस्ट्रेलिया हांचे मदीं समतोल आनी परस्पर फायद्याचो व्यापक अर्थीक सहकार करार (सीईसीए) करपा खातीर वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी ऑस्ट्रेलिये कडेन वचनबद्धताय  दाखयली. मेलबर्न ऑस्ट्रेलियांत ऑस्ट्रेलियन वेपार आनी पर्यटन मंत्री डॉन फारेल आनी कुशळटाय आनी प्रशिक्षण मंत्री अँड्रयू गील्स हांचे कडेन जाल्ल्या द्विपक्षीय चर्चा वेळार मंत्री गोयल हाणी  सांगलें. दोनूय राश्ट्रां मदीं सीईसीए सयत भारत-ऑस्ट्रेलिया अर्थीक भागीदारीची पुराय क्षमता उक्ती करपाचेर चर्चा जाल्या अशें वाणिज्य आनी उद्देग मंत्रालयान सांगलें. बसके वेळार मंत्र्यांनी सीईसीए वाटाघाटी खाला जाल्ले प्रगतीचो नियाळ घेतलो आनी द्विपक्षीय वेपार आनी अर्थीक भागीदारी  करपाच्या मार्गांचेर चर्चा केली. वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल न्यूझीलंड आनी ऑस्ट्रेलियेक दोन राश्ट्रांच्या भेटीचेर आशिल्लो .

आकाशवाणी पणजी फाल्या सांजें 5 वरांचेर गोवा विद्यापीठाच्या रसायनशास्त्र विभाग सभाघरांत 67वे  आकाशवाणी संगीत सम्मेलन घडवोन हाडता.

हतुत नामनेचे कलाकार आपली कला सादर करतले. अस्तंती शास्त्रीय संगीत व्हायोलीन युगल, देब शंकर रॉय आनी ज्योति शंकर रॉय सादर करतले . मराठी नाट्यसंगीत प्राची प्रदीप जठर जाल्यार कोंकणी गीता डॉ शकुंतला भरणे सादर करतल्यो . ह्या कार्यावाळीक चडात चड लोकांनी हाजीर रावचे अशे आकाशवाणी पणजीच्या महासंचालकानी मागला

आफ्रिकेंतल्या दोन राश्ट्रांच्या राज्य भेटीच्या पयल्या पांवड्यार राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आंगोला पावल्या. काल सांजवेळा राजधानी शार लुआंडा हांगा त्यो पावल्यो . अंदूं दोनूय देशांच्या राजनयिक संबंदांचे 40 वर्सां पुराय जाल्ल्यान ही भेट म्हत्वाची थारता. आयज राष्ट्रपती मुर्मू आंगोलाचे अध्यक्ष जुआंव मॅन्युएल गोन्साल्व्हेस लॉरेन्सो हांचे कडेन लुआंडा हांगाच्या राष्ट्रपती राजवाड्यांत द्विपक्षीय उलोवणी करतल्यो . हाचे उपरांत दोनूय देशांनी परस्पर हितसंबंदांच्या प्रस्नांचेर संजिकायेच्या कबलातीचेर स्वाक्षरी करपाची आनी अदलाबदल करपाची शक्यताय आसा.

सध्याच्या भेटी वेळार दोनूय वटांनी भलायकी जतनाय, अंतरिक्ष तंत्रगिन्यान, डिजिटल भौशीक मुळाव्या साधनसुविधां विशीं सहकार्याचेरूय चर्चा करूं येता. आंतरराष्ट्रीय सौर आघाडी, आपत्ती लवचीक मुळावी बांदावळ हांचे खातीर युती, जागतीक जैव इंधन युती, आंतरराष्ट्रीय व्हड माजर युती ह्या सारक्या जागतीक उपक्रमां खाला तांकां भागीदारी आनीक घटमूट करपाक मेळटली. 11 ते 13 नोव्हेंबर मेरेन राष्ट्रपती मुर्मू चालू आशिल्ल्या भोंवडेच्या दुसऱ्या पांवड्यार बोत्स्वानाक भेट दितले. बोत्स्वानाचो आपलो समकक्ष अध्यक्ष दुमा बोको हांचे कडेन ती द्विपक्षीय उलोवणी करतली. वेपार आनी गुंतवणूक, तंत्रगिन्यान, उर्जा, शेती, भलायकी, वखदां, संरक्षण, आनी लोकां कडेन संबंद अशा मळार द्विपक्षीय सहकार्य वाडोवपा खातीर नवे मार्ग ह्या विचारविनिमयांत सोदून काडटले. तशेंच बोत्स्वानान प्रकल्प चीता आनी बोत्स्वानासावन भारतांत चीताचें संभाव्य स्थानांतरण हांचेर भारता वांगडा सहकार्य करपाची तयारी दाखयल्या.

उत्तराखंडाच्या निर्मितीच्या रुप्याच्या महोत्सवाच्या उत्सवा खातीर आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी देहरादूनाक भेट दितले. हे भेटी वेळार प्रधानमंत्री ह्या प्रसंगाक निमतान यादस्तीक टपाल शिक्कोय जारी करतले आनी मेळाव्याक मार्गदर्शन करतले. 8 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या वेगवेगळया उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण आनी बुन्याद घालतले, तातूंत 930 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या प्रकल्पांचें उक्तावण आनी 7 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या प्रकल्पांचें बुन्यादी फातर घालतले. हे प्रकल्प पिवपाचें उदक, शिंपणावळ, तंत्रीक

शिक्षण, उर्जा, शार उदरगत, खेळ, आनी कुशळटाय उदरगत अशा जायत्या मुखेल क्षेत्रांक पुरवण करतात. तशेंच प्रधानमंत्री पीएम फसल बीमा येवजणे खाला 28 हजारां परस चड शेतकारांक थेट बँक खात्यांत 62 कोटी रुपयांची आदार रक्कम सोडटले. जलक्षेत्रा संबंदीत दोन मुखेल प्रकल्पांचो ते बुन्याद घालतले - सोंग धरण पिवपाचें उदक प्रकल्प जो देहरादूनाक दिसाक 15 कोटी लिटर पिवपाचें उदक पुरवण करतलो आनी नैनीतालांतल्या जमाराणी धरण बहुउद्देशीय प्रकल्पाक पिवपाचें उदक, शिंपणावळ आनी वीज निर्मिती खातीर आदार दितलो. हेर प्रकल्पांचो बुन्याद घालतले तातूंत वीज उपकेंद्रां, चंपावतांत बायलां खेळां म्हाविद्यालयाची स्थापणूक, नैनीतालांत अत्याधुनीक दुग्ध कारखानो आनी हेर प्रकल्प आसात.

अस्तंत वाळवंटांतल्या बदर-15 वाठारांत इजिप्ताच्या पेट्रोलियम आनी खनिज संसाधन मंत्रालयान नव्या सैमीक वायूचो सोद लायला. दर दिसा 1.6 कोटी घन फूट वायूच्या दरान हें क्षेत्र रोखडेंच उत्पादन नकाशांत जोडलां. ह्या सोदाक लागून सकयल्या बहरिया जलाशयांतल्यान येवपी साठ्यांत सुमार 15 अब्ज घन फूट वायू वाडपाची शक्यताय आसा अशें मंत्रालयान सांगलां.

भारतिय हवामान खात्यान फुडले पांच ते स दीस वायव्य आनी मध्य भारतात रातचें तापमान 2 ते 5 अंश सेल्सियस देंवपाची शक्यताय आसा असो अदमास उक्तायला . तशेंच सोमारा मेरेन विदर्भ आनी छत्तीसगडाच्या जायत्या वाठारांनी उण्यांत उणें तापमान सुमार 2 डिग्री सेल्सियस देंवपाची खूब शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.

आर प्राग्नानंद Hovhannisyan Robert आड आपली मॅच जिखून चवथे फेरयेंत पावलो . दीप्तायन घोष गॅब्रिएल सार्गिसियनाक हारून सर्तींतल्यान भायर सरलो. अर्जुन एरिगाईसीय उझबेकिस्तानाचो शामसिद्दीन वोखिदोवा वांगडा बरोबरी करून चवथ्या फेरयेंत गेलो. काल बरोबरी जाले उपरांत पेन्टाला हरिकृष्ण आनी प्रणव व्ही हेय फेरयेक चवथे सुवातेर गेले. एसएल नारायणन चीनाच्या यु यांगयी आड बरोबरी खेळ्ळो.